# *धव्यार काळो: अर्दो अर्दो*

**– बाळकृष्णजी कानोळकार**

हांव काळो
मुखार म्हजे
कॅन्व्हास धवो

हातांत पिशाल
रंग फिशाल
कॅन्व्हासार हांव
सैर नि:वैर
मनाक मारता तशें
लायत वतां रंगपिशें
नितळ पातळ दाट घन
आडवें तिडवें वयर सकयल उबें मन
ॲब्स्ट्रॅक्ट बिबस्ट्रॅक्ट
हार्ड नि सॉफ्ट
रायट लॅफ्ट लॅफ्ट रायट
एक निशेबाज हांव

हांव नकळ
खंयचो रंग खरो
खंयचो फट
खऱ्यांनीच खंयचो बरो
खंयचो वायट खंयचो आवट
खंयचो हीण खंयचो इन

इन मिन तीन
रंगांची ही जीण
इन मिन तीन
वरांचो हो सीन
इन मिन तीन
सुरांची शेळोण
इन मिणमिण
दिवलेचें रीण

उजवाड उदार मेळना म्हण
काडलां हांवें रीण
रंग लावपाक कॅन्व्हासार
जाय जाय जाय
उज्ज उजवाड जाय
उजवाडा रीण भंगू
कळंतर तरी निर्के
फारीक करपाकूच जाय

जीण ही
न्हय एकरंगी
तिचो आकार
निराकार
जाणें घडयला जिवित्कार
म्हजे म्हाका भितर भितर
काळख्या काळ्या कुसव्यांत
गोमलें आतां गोमटें सत
नि:रंग उजवाड
निराकार वावझड
तशीच जीण
आलतड पलतड

रंग रूप अशें तिचें
खंयच्या रंगांत रंगोवं तर
असली कसली अदृष्ट
जीवघेणी जीण खर?

सोंपत आयलां
आटत आयलां
दिवलेंतलें तेल
आटत आयलां

वात मिणमिण मिणमिणटा
उजवाड शिणशिण शिणशिणटा
तकली घणघण घणघणटा
काळीज कणकण कणकणटा
उजवो दोळो फडफडटा
दावोय दोळो खुणखुणटा
हातबोट खुळखुळटा
कॅन्व्हास सोब्र सुळसुळटा
आक्राळ काळ वळवळटा
हातांत पिली सुटसुट्टा.
पान पान गळगळटा
उडऊड वाऱ्यार उडउडटा


हांव कॅन्व्हासार
रंग थापीत वतां
हांव
रंगा थालयो वोतीत वतां
तांबडो पाचवो
हरवो हळदुवो
निळो जांबळो
शेंद्री नारिंगी
भिंग्री सुरिंगी

भांगरा कोर
रुप्या कोर
मोरा कोर
चोरा कोर
मोरार चोर
चोरार मोर
असो हांव

हांव रंग लायत वतां
हांव म्हाका ओंपीत वतां
हांव म्हाका रेखीत वतां
हांव म्हाका फेंकीत वतां
हांव म्हाका मोखीत वतां
हांव म्हाका जोखीत वतां
हांव म्हाका मापीत वतां
हांव म्हाका धांपीत वतां
हांव म्हाका फुलयत वतां
हांव म्हाका झुलयत वतां

असो हांव...
वतां वतां वतां

पूण म्हाका हांव गावना
हांव गांवचे गांव भोंवतां
हांव हेड हेड हेडटां
हांव सोद सोद सोदतां
पूण सोद म्हाका लागना
म्हाजोच म्हाका
सोद लाग लाग लागना
म्हाका जाय तो कोर
कोरभर लेगीत
हातीक म्हज्या लागना



स्टुडियोंत
डार्करूमांत
आर्ट गॅलरींत हांव
काळखा-उजवाडाचो खेळ
खेळयतां
हांव सुखदुख्खाचो मेळ
मेळयतां
विणटां हांव जिणेगोफ
आनी मान्निधालो खेळटां
फोग फोग हांव
फुगडी घालतां
समेळ सुवारी तालगडी
घुमट हांव वाजयतां

हांव
रोम रोम रोमट
मारतां
पूण म्हाका हांव गावना

हांव
व्हर्शेतां
हांव
निर्शेतां
हांव
खर्शेतां
हांव
हुसकेतां
हांव
हुडकेतां
हांव
रुंवरुंवतां
हांव
घुंवघुंवतां
हांव
गुरगुरतां
हांव
सुरसुरतां
हांव

खुरखुरतां
हांव
भुकभुकतां
हांव
सुकसुकतां
हांव
पिरपिरतां
हांव
भिरभिरतां
हांव
किरकिरतां
हांव
किरायतां
हांव
किट्‌किट्टां
हांव
तिट्‌तिट्टां
हांव
तट्‌तट्टां
हांव
फट्‌फट्टां
हांव
चिट्‌चिट्टां
हांव
मिट्‌मिट्टां
हांव
तड्‌तड्टां
हांव
फड्‌फड्टां
हांव
हिणहिणटां
हांव
न्हिन्हळटां
हांव
खुब्बळटां
हांव
फुट्टां
हांव
पेट्टां
हांव
मोडटां





म्हासागर हांव
म्हजे म्हाकाच
कोपांत बुडयतां
व्यसनांत घाणयतां
सपनांत शेणयतां

असो बेवारस रसहीण
खपनखायरो भिकारचोट हांव
सपनसुंदरीचो, सृजनाचो
सपन पळेतां

रंगपात्र रिक्त पडलां
माथ्यार जल्मारीण रावलां
फिशाल ब्रश मोनो मोडला
आनी म्हाका
संवसार सारणाचो
प्रस्न पडला

प्रस्न प्रस्न आनी प्रस्न
हांव प्रस्नांत फारावलां
मुखार कॅन्व्हास रागावला
म्हजे कर्डे पळोवन
तिडकीन तो हांसता
अकस्मात आनी
खंयसून तरी
एक कीट
सट्ट करून
पडटा
म्हजे अंतर्यामीं

हांव किंवाट्यान
उठ्ठां
बुद्दीभ्रंश जाल्लो हांव
थोट्या हातान
मोडको ब्रश घेतां

पिताऱ्ूक पळय जाल्यार
कॅन्व्हास पुराय झिरझिरला
तसे रंगूय साबार
सरल्यात
फकत इल्लो काळो कोर
आनी कोरभर धवो
उल्ला.
जिणेसत
ह्या वेळा
अंतीम खिणाक
होलमलां.

हांव...
हांव एक पोर
हांव एक कोर
पळय पळय पळयतां कुड्डो
आटय आटय आटयतां तांबडो
पिळपिळ पिळटां पिवळो
निवळ निवळ निवळायतां निळो
कालय कालय कालयतां काळो
धवळ धवळ धवळटां धवो
गरय गरय गरयतां पारवो
सारय सारय सारयतां पाचवो
रुजय रुजय रुजयतां रुपो
कडय कडय कडयतां भांग्रो
फांस फांस फांसतां सोब्रो
जळय जळय जळयतां जांबळो
वळ वळ वळटां काबळो
भर भर भरतां जाबळो

घोळ घोळ घोळयतां
केळ केळ केळयतां
खेळय खेळय खेळयतां
टेळ टेळ टेळतां
मार मार मारतां
म्हाका
कॅन्व्हासार मारतां

तसो म्हाका
खंयच्याच रंगाचो
आत्सो ना पात्सो
हुस्को ना भिस्को
ॲलर्जी ना बिलर्जी
अर्जी ना मर्जी.

तांबडो म्हाका चलता
भगवो म्हाका भावता
धवो म्हाका फावता
पाचवो म्हाका पावता
नारिंगी म्हाका...
ना ना नारिंगी...
गिरी गिरी रिंगा

रिंगा रिंगा रोजी
बास्केट फुल ऑफ रोजीस
रोजी म्हजें रोजी
कित्याक आयजु ओगी?
ओऽस्सा
घुऽस्सा
ऑल फॉल डाव्न.

असो कोर चंद्रकोरसो
शाणो शेणलो जळामळा
ताचीच ही काणी काणी
काणी जाली भांगरा काणी
भांगराक आयलो दर
आनी काणयेक आयलो जोर

जोर रट्टा पेजेक
पेज जाय जुझेक
जुझे म्हजो खंय खंय
वड पिंपळ थंय थंय

कॅन्व्हासार वड
वडार पिपळ
पिपळ पिसो दाखयता
जीण म्हाका आपयता
कित्याक गे जिणे आपयतय?
म्हाका कोण तू तापयतय?

तापय तापय तापयलो
तव्यार पापड फुलयलो
फुलत्या पापडाक रूच ना
काल खल्लें आयज ना
आयज ना दायज ना
ना ना जना ना
जना ना मना ना

मना मना किरयतय
कॅन्व्हासाचेर गरयतय
गरयेक पावल्या मुदी
चल बायलेचे सुदी
सुदी बायल दुदी
दुदी वाडे दुदी वाडे

पावळेचो पास्टाक भिडे
भिडे भिडे पॉट वाडे
पॉटाक बांदले दोर
हांव कोरकुड्डो पोर

पोरांचे मळणेक
बीं ना भात
भात भात भातुकली
भातुकलींतलीं राजा-राणी
राणी गेली पळोन
राजा पडलो गळोन.

गळ गळ गळ्ळो कोर
कोर कोर धल्लो चोर
हांव चोराक बांदतां
हांव म्हाकाच बांदतां
हांव म्हाकाच पिडटां
म्हजो म्हाकाच पिळटां
रंगांच्यो दिसता बरी
बिरीबिरी पावस पट्टा
पावसा पाणयाचो बोवाळ
आंकवार मायेक जाला बाळ

जाला ताचो बापूय ना घरा
येता तेन्ना येवंदी
घेता तेन्ना घेवंदी
आर्दीच होऽ
कळाव जाला
दिवली कळो
बार्वोक पावला

पावलां म्हर्जी उरतेलीं
रेंवेंतल्यान फाटल्यान येवप्यांक
वाट तीं सांगतेलीं
येतल्यांक येवुंदी
वतल्यांक वचुंदी

मुखार भार
ना सांबळना
कोण तूं?
ओऽशिमार!

लावन नेट उठ्ठां हांव
इल्लो घेतां काळो पेण्ट
आनी धवो इल्लो
लायतां काळ्यार धवो तसो
धव्यार काळो: अर्दो अर्दो.

